# संवसारीक मलेरिया दीस मनयलो

ता. 29 एप्रिल 2025

भलायकी सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाखाला आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राज्य पांवड्याचेर आयोजीत कार्यक्रमात संवसारीक मलेरिया दिस मनयलो.

कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण इंडियन मेडिकल असोसिएशनचे अध्यक्ष डॉ. दत्ताराम बी. देसाय हे उपस्थित आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना डॉ. देसाय हांणी राज्यांत मलेरिया रोगाचेर नियंत्रण हांडपा खातीर भलायकी खात्याच्या कर्मचाऱ्यां कडल्यान जावपी वावराची तोखणाय केली आनी मलेरिया रोगाच्या निर्मूलनाखातीर सगळ्यांनी मेळून प्रयत्न करपाची गरज उक्तायली. गोंय हे ल्हान तशेंच सुशिक्षीत लोकांचे राज्य आशिल्ल्यान लोकांमदी मलेरिया रोगाविशी जागृताय करप आनी आवश्यक उपाय करून मलेरियाचे निर्मूलन करप शक्य आशिल्ल्याचे, तांणी सांगलें.

कार्यक्रम अधिकारी आनी राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाचे उपसंचालक डॉ. कल्पना महात्मे हांणी येवकाराच्या उलोवपात गोंय राज्यांत मलेरिया नियंत्रणाखातीर केल्ल्या उपायांचो नियाळ घेतलो. गोंयांत थळाव्या लोकांमदी मलेरिया रोगाचो आकडो शुन्य आसलो तरी स्थलांतरीत मजूरांक लागून गोंयांत मलेरियाचे दुयेंती सापडतात. अशां लोकांचो सोद घेवन मलेरिया प्रतिबंदात्मक उपाय करपाचेर यंत्रणेचो भर आसता, अशें डॉ. महात्मे हांणी सांगलें.

राष्ट्रीय मलेरिया संशोधन संस्थेचे शास्त्रज्ञ श्री. अजीत कुमार मोहंती हांणी वेळार दखल घेवन आनी संशोधन करून मलेरियाचेर नियंत्रण हांडपाक राज्य सरकाराक मजत करप हे संस्थेचे प्राधान्य आशिल्ल्याचे सागलें आनी डिजिटल तंत्रज्ञान वापरून स्थलांतरीत मजूर आनी मलेरियाची पैदास जावपी जाग्यांचेर मलेरिया नियंत्रण उपाय करपाचेर संशोधन करपात येतले, अशें सांगलें.

भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ रूपा नाईक हांणी राज्यांत मलेरियाचेर नियंत्रण दवरपाक खात्यावतीन आवश्यक उपाय करपात येत आशिल्ल्याचे सांगलें.

भलायकी मंत्र्यांचे विशेंश अधिकारी डॉ. राजनंदा देसाय आनी हेर भलायकी अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं मलेरिया निर्मूलनावयल्या पोस्टर सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर भलायकी सेवा मळावयल्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/415

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.